Panaji Regional 26th February 2026 7.25am

70
गुंतवणूक उर्बा मंडळाच्या बसकेत 445 कोटी 24 लाखांच्या 10 प्रकल्पांक मान्यताय दिली. हातूतल्यान 801 नोकऱ्यो तयार जातल्यो. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली. बसकेक उद्येग मंत्री मॉविन गुदिन्हो, आयडीसीचे अध्यक्ष आमदार अलेक्स रेजिनाल्ड तशेच हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले. लॉजिस्टिक,अन्न प्रक्रीया, उत्पादन हे संबंदीचे हे प्रकल्प आसा. सगळे प्रकल्प उद्देगीक वसणुकेत सरकारी जाग्याचेर जातलें. धारबांदोडा, पिसुर्ले, तुयें, नाकेरी, खोर्ली हांगा लॉजिस्टिक, अन्न प्रक्रीया अशा उद्देगांक मान्यताय दिल्या, अशें मूखेमंत्र्यांनी सांगलें.

70
जाचेकडेन निर्णय घेवपाची ताक, आत्मविश्वास, सहभागाची भावना तशेचं विचारपुर्वक अभ्यासु वृत्तीतल्यान काम करपाची क्षमता, पाशयेस आसा तो एक बरो नेतृत्व करपी फुडारी जावपाक शकता अशे मुखेलमंत्री dr प्रमोद सावंत हाणी म्हणला. फुडारी म्हणल्यार फकत राजकीय फुडारी न्ही, हेर मळारं लेगीत बऱ्या फुडाऱ्यांची गरज आयज देशाक आसा अशे सावंत हांणी मुखार म्हणला. ते विद्यार्थी संसद सर्ती वेळार उलयताले. Byte - 20
ही कार्यावळ पर्वर सचिवालयाच्या सभाघरात जाली.

130
मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे अधिवेशनाच्या पयल्याच दिसा 6 मार्चाक 2026 - 27 वर्साचो अर्थसंकल्प सभाघरांत सादर करतले. अर्थसंकल्पाचेर 9 आनी 10 मार्चाक चर्चा जातली अशी म्हायती सभापती गणेश गांवकार हांणी कामकाज सल्लागार समितीचे बसके उपरांत दिली. विधान सभेत काल अर्थसंकल्पी अधिवेशनाचें कामकाज थारावपा खातीर सभापती गणेश गांवकार हांचे फुडारपणा खाला बसका जाली. हे बसकेक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, आमदार विजय सरदेसाय आनी हेर वांगडी हाजीर आशिल्ले. अर्थसंकल्पाचेर चर्चा जाले उपरांत 11 मार्च सावन खात्यांच्या मागण्यांचेर चर्चा सुरू जातली. अधिवेशनांत 15 खासगी

प्रस्ताव चर्चेक घेतले अशें सभापती गणेश गांवकार हांणी सांगले. इतले मजगती शुक्रार हो खासगी थाराव मांडपाचो दीस आशील्ल्यान ह्या दीसा अर्थसंकलल्प मांडचे परस तो हेर खंयच्या दीसा मांडचो अशी प्रतीक्रीया विरोधी पक्षातल्या फुडाऱ्यांनी व्यक्त केला. अर्थसंकल्पिय अधिवेशन 6-26 मार्च ह्या काळात 14 दीस चलतले.

40

नगर नियोजन कायद्याच्या कलम 39 (अ) चेर विधानसभेत चर्चा जावंक जाय. चादशा विरोधी आमदारांनी ताचेर चर्चा करपाक तेंको दिला, तशेंच विधानसभा कामकाजा वेळार सभाघरांतले शिश्टाचार तिगोवन दवरप महत्वाचे आसा अशे विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हाणी म्हणला. Bytes – 32

55

28 फेब्रुवारी ते 1 मार्च मेरेन कला अकादमींत 42वो सुरश्री केसरबाई केरकार संगीत महोत्सव जातलो. 28 तारखेक सांजवेळा 5 वरांचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं उक्तावण जातले. थळाव्या आनी देशभरांतले नामनेचे कलाकार ह्या महोत्सवांत शास्त्रीय संगीत आनी नाच सादर करतले अशें कला अकादेमीचे अध्यक्ष चंद्रकांत कवळेकार हांणी सांगलें. पणजे जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले.

Weather – 50

चडांत चड तापमान 32-33°C उण्यांत उणे तापमान २२-२३°C.

Sports – 60

पणजी जिमखाना मैदानाचेर आयोजीत केल्ले आंतर प्रसार माध्यम टी-10 क्रिकेट सर्तीत पयले सेमी फायनलींत प्रुडंट मिडिया आनी नवहिंद पब्लिकेशनाची मॅच जातली. गोंय खेळां प्राधिकरण हांच्या सहकार्यान गोंय खेळां पत्रकार संघटणेन आयोजीत केल्ले हे सर्तीची दुसरी सेमी फायनल गोवन वार्ता आनी टायम्स ऑफ इंडिया हांचें मदी जातली. फायनल आनी सेमी फायनल आयज 26 फेब्रुवारीक जातली. फायनल दनपारां 2.30 वरांचेर सुरू जातली.